## नु शी नलिनी जहाजाच्या परिस्थितीचो तंज्ञांच्या पंगडा कडल्यान आढावो

ता. 26 ऑक्टोबर 2019

दोनापावला लागी दर्यांत आडकून पडिल्ल्या नु शी नलिनी ह्या जहाजाच्या परिस्थितीचो आढावो घेवन उपाय करपाचे काम कॅप्टन के पी जयकुमार, नॉटिकल एडवायजर, भारत सरकार, कॅप्टन मोहित बेहल, नॉटिकल सर्वेयर, डी जी शिपिंग आनी बोध राज, इंजिनियर आनी शिप सर्वेयर, मर्कन्टायल मरिन विभाग, मुंबय ह्या तीन तंज्ञांचो पंगड एमपीटी आनी राज्य प्रशासनातल्या अधिकाऱ्यांच्या सहकार्यान करतात. ह्या जहाजात सुमार 2,000 टन नाफ्ता, 50 टन जड तेल आनी 19 टन डिजेल आसा. ह्या जहाजाचेर कोणूच मनीस ना . ह्या जहाजाचेर वेगवेगळी यंत्रणां 24 वरा लक्ष दवरून आसात.

बंदर अधिकाऱ्यांनी आनी तटरक्षक दळान हेलिकॉप्टरातल्यान केल्ल्या पळोवणेत तेल गळटी जावंक नाशिल्ल्याचे दिसून आयला. तेल गळटी जाली जाल्यार उपाय करपा खातीर तटरक्षक दळाची एक बोट मुंगरून पडिल्ल्या जहाजा लागसारच्या वाठारात तैनात केल्ली आसा. हे जहाज फाटली 24 वरां आडकून पडिल्ल्या त्याच परिस्थितीत आसा. सध्या दर्या खवळलेलो आसा.

नौदळाच्या हेलिकॉप्टरातल्यान जहाजाच्या परिस्थितीची पळोवणी केले उपरांत बसका घेवन फुडलो उपाय करपाची कृती थारायतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/748

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA